भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जेजूचे चमत्कार



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus Alastair Paterson

बानून घेवपी :- E. Frischbutter; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जेजून जायते चमत्कार केले. जेजू खरेंच देवाचो पूत दाखोवंक चमत्कार एक चिन्न आसली. पयलो चमत्कार लगनाच्या फेस्ताक घडलें. एक समस्या निर्माण जाली. सोरो सोंपलो.



जेजूची आवय मरियम्मान ताका ह्या समस्या विशीं सांगलें, मागीर नोकरांक जेजू आदन्या दिता तें करपाक सांगलें.



“ह्या पात्रांक उदक भरात” जेजून सांगलें.
“उदक?” तांणी विचारिल्लें आसूं येता.
होंय, जेजून उदक मागल्लें.



जेजून मागीर एका
नोकराक सांगलें की एका
व्हडल्या पात्रांतल्यान
घेवन फेस्ताचया धनियाक
ताची चव घेवंक दि. उदक
आतां सोरो जाल्लो! बरो
सोरो! सगळयांत
बरो सोरो.



नोकरांक अजाप जालें. जेजून उदकाचो सोरो केलो. फकत देवच अशे चमत्कार करुंक शकतालो.



जेजून हेर चमत्कार केले. एके सांजवेळार तो आनी ताचे शिश्य पेद्रूच्या घरा गेले. पेद्रूची सासण जोरान खूब दुयेंत आशिल्ली.



जेजून दुयेंत बायलेच्या हाताक हात लायलो. खिणाक ती परतून बरी जाली. जेजूची आनी शिश्यांची सेवा करपाक ती उठली.



त्या दिसा सांजवेळार
पुराय शार दारांत जमलें
अशें दिसतालें. दुयेंत
लोक आयले – कुड्डे,
बहिरे, मुके, अपंग.
तातूंत रावपी भुतांखेत
आशिल्ले लोक लेगीत
जेजू कडेन गर्दी
करताले. इतल्या
लोकांक तो मजत
करूंक शकतालो?



जेजू, देवाचो पूत, मदत करूंक शकतालो. जेजून आदार केलो खरो. ताचे कडेन आयिल्ले सगळे बरे जाले. कुरकुरीत जिणेंत ओढून व्हरपी लोकांक आतां चलपाक आनी धांवपाक आनी उडी मारपाक मेळटालें.



हेर आयले, जे
कुश्ठरोगान
कुरूप जाले.



जेजून तांकां बरे
करतना ते बरे आनी
निवळ जाले.



अशुध्द आत्मेनी त्रास जाल्ले दादले-बायलो जेजू मुखार उबे रावले. ताणें अशुध्द आत्मे तांकां सोडून वचपाची आदन्या दिली. जशे जशे अशुध्द आत्मे आदन्या पाळटाले तशे भियेल्ले, नाखूश लोक शांत आनी आनंदी जाले.



गर्दे फाटल्यान, चार मनशांनी आपल्या इश्टाक जेजू कडेन आदार करपाचो यतन केलो. पूण तांकां लागीं पावूंक मेळ्ळें ना. तांकां कितें करूं येतालें?



दुयेंत मनशाक घराच्या छप्पराचेर व्हरून चार विस्वासू इश्टांनी छप्पर वेगळो ओडून सकयल देंवयलो. आतां तो जेजूक लागीं आशिल्लो.



जेजून पळयलें की चार
इश्टांक भावार्थ आसा.
ताणें दुयेंत मनशाक
म्हणलें, “तुजीं पात्कां
माफ जाल्यांत. तुजी
खाट उखलून चल.”
तो मनीस उबो
रावलो, बरो आनी
बळिश्ट. जेजून
ताका बरो केलो.



रोखडेंच जेजू शिश्यां वांगडा बोटींत बसलो. एक भिरांकूळ वादळान दर्याक मथून उडयलो. जेजू न्हिदिल्लो. भियेल्ल्या शिश्यांनी ताका जागो केलो. “प्रभु, आमकां वाचय” ते रडले. “आमी नाश जातात!”



“शांत राव” जेजून ल्हारांक आदन्या केली. रोखडोच दर्या शांत जालो. “हो कसलो मनीस?” ताचे शिश्य फुसफुसले. वारो आनी दर्या लेगीत ताचें आज्ञापालन करतात. जेजू देवाचो पूत अशें तांकां दिसतालें कारण ताच्या चमत्कारांनी ताची महिमा दाखयली. शिश्यांक तें कळ्ळें ना, पूण जेजून मनशां मदें देवाची सेवा करताना ताचे परस चड



चमत्कार करता तें पळोवपाचे आशिल्ले.

# जेजूचे चमत्कार

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

मातेव ८-९, मार्क १-२, मार्क ४,
लुकास ४, लुकास ८, जुवांव २

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

40

60

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16